TRANSLATED COPY

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

[2023] 3 एस.सी.आर. 766

पंजाब राज्य

वि.

दिल बहादूर

(फौजदारी अपील क्र. 844/2023 )

मार्च 28, 2023

**[न्या. एम. आर. शाह आनी न्या. सी. टी. रविकुमार]**

*दंडादेश/ दंडादेश दिवप - तत्वां — उच्च न्यायालयान जरी भारतीय दंड संहितेच्या (आय.पी.सी.) कलम 279 आनी 304ए खाला प्रतिवादी-आरोपीची गुन्यांवांक दोशी थारिल्ल्याची पुश्टी केली, मात, दोन वर्सां वयल्यान आठ म्हयन्या मेरेन ख्यास्त उणी केली — चें*

*समर्थन — असो निर्णय दिलो की: ख्यास्त उणी करतना उच्च न्यायालयान गुन्यांवाची गंभीरताय आनी आरोपीन केल्ल्या गुन्यांवाचे पद्दतीचो मातूय विचार करूंक ना – आरोपीन अविचारीपणान आनी निश्काळजीपणान वाहन चलयल्ल्यान एका निरपराधी मनशाक मरण आयलें आनी दोन जाण जखमी जाले –आय.पी.सी. ही दंडात्मक आनी प्रतिवारक स्वरुपाची आसा, हे वस्तुस्थितीचो विचार उच्च न्यायालयान करूंक ना – आय.पी.सी. खाला केल्ल्या गुन्यांवांक गुन्यांवकारांक ख्यास्त दिवप हो मुखेल हेतू आनी उद्देश आसता आनी गुन्यांव आनी ख्यास्त हांचे मदल्या प्रमाणबद्दतेचें तत्व मतींत दवरचें पडटा - फुडें, न्याय्य दंडाचें तत्व म्हणल्यार गुन्यांवकारी गुन्यांवाच्या संदर्भांत ख्यास्त दिवपाचें मुळावण — जरी, ख्यास्त दिवपाचें तत्व दुरुस्ती उपायांक मान्यताय दिता पूण प्रकरणाच्या तथ्यांचेर आदारून आडावप ही एक आवश्यक गरज आसता अशेय प्रसंग येतात - आरोपीक फावो ती सहानुभुती दाखोवपी आक्षेपीत निर्णय योग्य ना आनी तो कुशीक दवरला — न्यायचवकशी न्यायालयान दिल्ली ख्यास्त जी सत्र न्यायालयान कायम केली ती परत निश्चीत केली — दंड संहिता, 1860 – कलम 279, 304ए.*

*मध्य प्रदेश राज्य वि. सुरेंद्र सिंग* ***(2015) 1 एस.सी.सी 222 : [2014] 13 एस.सी.आर 554****; पंजाब राज्य वि. सौरभ बक्षी* ***(2015) 5 एस.सी.सी 182 : [2015] 3 एस.सी.आर 590;*** *हिमाचल प्रदेश राज्य वि. रामचंद्र रबिदास* ***(2019) 10 एस.सी.सी 75 : [2019] 15 एस.सी.आर 771 - आदारीत.***

**निर्णय विधी संदर्भ**

**[2014] 13 एस.सी.आर 554 चेर आदारून आशिल्लो परिच्छेद 3.3**

**[2015] 3 एस.सी.आर 590 चेर आदारून आशिल्लो परिच्छेद 3.3**

**[2019] 15 एस.सी.आर 771 चेर आदारून आशिल्लो परिच्छेद 5.1**

फौजदारी अपील अधिकारक्षेत्रः फौजदारी अपील 2023 चो क्रमांक 844.

26.04.2017 दिसाच्या चंडीगढ हांगा पंजाब आनी हरियाणा उच्च न्यायालयाच्या सी.आर.आर क्रमांक 4113/2016 हातूंत केल्ल्या निवाड्यांतल्यान आनी आदेशांतल्यान.

श्रीमती कनिका आहूजा, करण शर्मा, ऋषभ शर्मा, अपीलकर्ता खातीर वकील.

आफताब अली खान, एम. झेड. चौधरी, प्रतिवादी खातीर वकील.

**न्यायाधीश एम. आर. शाह, हांणी न्यायालयाचो निवाडो दिलो.**

1. चंडीगढ हांगा पंजाब आनी हरियाणा उच्च न्यायालयान फौजदारी पुनरिक्षण अर्ज सी.आर.आर. क्रमांक 4113/2016 पारीत केल्ल्या न्यायनिवाड्याचेर आनी आदेशान व्यथीत आनी असमाधानी जाल्ल्यान, जाचे वरवीं उच्च न्यायालयान भारतीय दंड संहितेच्या कलम 304 ए खाला गुन्यांवा खातीर प्रतिवादीची ख्यास्त कायम दवरल्या आसली, तरी ख्यास्त दोन वर्सां वयल्यान आठ म्हयन्यां मेरेन कमी केल्या, मरण आयिल्ल्याच्या कुटुंबाक कायदेशीर वारसाक दिवपाक जाय आशिल्ल्या लुकसाण भरपाय खातीर 25,000/- रुपया

पयलीं जमा करपाचे अधीन, पंजाब राज्यान सद्याच्या अपिलाक प्राधान्य दिला.

2. हांगासर तो प्रतिवादी — मूळ आरोपी स्कॉर्पियो गाडी अविचारीपणान आनी निश्काळजीपणान चलयतालो, ताका लागून दावे वटेनच्यान एम्ब्युलन्स घेवन वतना एका मनशाक मरण आयलें. प्रतिवादीन अविचारीपणान आनी निश्काळजीपणान वाहन चलयल्ल्यान एम्ब्युलन्सांत बशिल्ले दोन जाण जखमी जाले. टक्कर जाल्ल्यान एम्ब्युलन्स उमथली, हाचे वयल्यान आरोपी स्कॉर्पियो खूब वेगान चलयतालो हें दिसून येता. प्रतिवादीचेर भारतीय दंड संहितेच्या कलम 279 आनी 304 अ खाला गुन्यांवांचेर खटलो चलयलो. विद्वान न्यायचवकशी न्यायालयान आय.पी.सी.च्या कलम 279 आनी 304 ए खाला गुन्यांवकारांक दोशी थारायलो आनी आरोपीची ख्यास्त सत्र न्यायालयान कायम दवरली. आरोपीन उच्च न्यायालया मुखार सद्याचो पुनरिक्षण अर्ज दाखल केलो. आय.पी.सी.च्या कलम 304 ए खाला उच्च न्यायालयान आरोपीची दोशसिद्धी कायम केली आसल्यार लेगीत, 25,000/- रुपया पयलीं जमा करपाचे अधीन रावन ख्यास्त आठ म्हयन्यांची सादी बंदखण अशी केली. ह्या पांवड्यार हें लक्षांत

घेवचें पडटलें की, उच्च न्यायालयान पुनरिक्षण अर्जाचेर निर्णय दिल्लो त्या वेळार आरोपीक सात म्हयने आनी पंदरा दिसांची प्रत्यक्ष ख्यास्त जाल्ली आनी देखून उच्च न्यायालयान ही ख्यास्त फकत आठ म्हयन्या मेरेन उणी केल्ली अशें दिसून येता.

2.1 आय.पी.सी.च्या कलम 304 ए खाला गुन्यांवाची ख्यास्त आठ म्हयन्यां मेरेन उणी केल्या, ताका लागून उच्च न्यायालयान पारीत केल्ल्या आक्षेपीत न्यायनिवाड्या आड आनी आदेशा आड, पंजाब राज्यान प्रस्तूत अपील दाखल केल्या.

3. राज्या वतीन हाजीर आशिल्ल्या विद्वान वकील श्रीमती कनिका आहुजा, हांणी खरपणान सादर केलां की, ह्या प्रकरणाचीं तथ्यां आनी परिस्थितीं पळोवन, पयल्या अपिलीय न्यायालयान कायम केल्ल्या विद्वान न्यायचवकशी न्यायालयान दिल्ले ख्यास्तींत हस्तक्षेप करून उच्च न्यायालयान गंभीर चूक केल्या.

3.1 ख्यास्त उणी करतना उच्च न्यायालयान आरोपीक फावो नाशिल्ली सहानुभुती दाखयला अशें सादर केलां. ख्यास्त उणी करतना उच्च न्यायालयान आरोपीन गुन्यांव केल्ले पद्दतीचो मातूय विचार करूंक ना आनी/वा विचारांत घेवंक ना अशें सादर केलां. आरोपीन

बेजबाबदार आनी निश्काळजीपणान वाहन चलयल्ल्यान, एका निरपराधी मनशाक मरण आयलें आनी एम्ब्युलन्सांत बशिल्ले दोन जाणा जखमी जाल्ले, ही वस्तुस्थिती उच्च न्यायालयान विचारांत घेवंक ना, अशें सादर केलां.

3.2 फूडें अशें सादर केलां की, आरोपी स्कॉर्पियो (गाडी) चलयतालो आनी तोय खूब वेगान आनी क्रॉस रस्त्यार आसतना बेजबाबदार आनी निश्काळजीपणान चलयतालो आनी वाहनांची टक्कर जाल्ल्यान एम्ब्युलन्स उमथली. देखून उच्च न्यायालयान अशा आरोपी मनशाच्या फायद्या खातीर अयोग्य सहानुभुती दाखोवंक फावो नाशिल्ली, जाच्या बेजबाबदार आनी निश्काळजीपणान वाहन चलोवपाचे कृतीक लागून एका निरपराधी मनशाचो जीव गेलो आनी दोन जाणा जखमी जाले, अशें सादर केलां.

3.3 वयल्या निवेदनांक धरून आनी **मध्य प्रदेश राज्य वि एस. सुरेंद्र सिंग** (2015) 1 एस.सी.सी. 222 आनी **पंजाब राज्य वि एस. सौरभ बक्षी** (2015) 5 एस.सी.सी. 182, केशी संबंदांत न्यायालयाच्या न्यायनिर्णयांचेर आदारून, सद्याच्या अपिलाक परवानगी दिवची आनी

विद्‌वान न्यायचवकशी न्यायालयान दिल्ली आनी विद्‌वान सत्र न्यायालयान कायम केल्ली ख्यास्त दिवपाची मागणी केल्या.

4. प्रस्तूत अपिलाक विरोध करतना सर्वोच्च न्यायालयाच्या विधी सहाय्य समितीन नेमिल्ल्या प्रतिवादी – आरोपीचे वतीन हाजीर आशिल्ले विद्‌वान वकील श्री. आफताब अली खान हांणी सादर केलां की, नाजूक परिस्थितीचो विचार करतना उच्च न्यायालयान मरण आयिल्ल्याच्या कुटुंबाक आनी  कायदेशीर वारसाक आदल्या ठेवीचेर 25,000/- रुपयांची लुकसाण भरपाय दिल्यार ख्यास्त कमी करून आठ म्हयन्यांची केल्या, तातूंत ह्या न्यायालयाक हस्तक्षेप करूंक मेळना.

4.1 प्रतिवादी — आरोपी एक गरीब मनीस आनी फकत ड्रायव्हर आशिल्लो आनी देखून ताका दोन वर्सां खर बंदखण करपाक धाडलो जाल्यार ताका आनी ताच्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांक त्रास जातलो अशें सादर केलां. जेन्ना वयल्या तथ्यांचो उच्च न्यायालयान विचार केलो आनी उच्च न्यायालयान ख्यास्त उणी केल्या, तेन्ना त्याच प्रकरणांत ह्या न्यायालयान हस्तक्षेप करूंक मेळचो ना, अशें सादर केलां.

5. संबंदीत पक्षकारांचे वतीन हाजीर आशिल्ल्या विद्वान वकीलाचें म्हणणें विस्तारान आयकलें. सुरवेक हें लक्षांत घेवप गरजेचें की, प्रतिवादी – आरोपीक आय.पी.सी.च्या कलम 279 आनी 304 ए खाला गुन्यांवा खातीर दोशी थारायलां. वयर उल्लेखीत गुन्यांवां खातीर ताची ख्यास्त, उच्च न्यायालयान न्यायनिवाडो आनी आदेशान निश्चीत केल्या. पूण, ह्या न्यायनिवाड्यान आनी आदेशान उच्च न्यायालयान विद्वान न्यायचवकशी न्यायालयान दिल्ल्या आनी विद्वान सत्र न्यायालयान कायम केल्ले खास्तींत हस्तक्षेप करून, ती ख्यास्त दोन वर्सां वयल्यान आठ म्हयन्यांचेर हाडल्या. पूण, ख्यास्त उणी करतना उच्च न्यायालयान गुन्यांवाची गंभीरताय आनी आरोपीन केल्ल्या गुन्यांवाचे पद्दतीचो आनी आरोपीच्या बेजबाबदार आनी निश्काळजीपणान वाहन चलयल्ल्यान, एका निरपराधी मनशाक मरण आयलें आनी एम्ब्युलन्सांत बशिल्ले दोन जाण जखमी जाले, हांचो मातूय विचार करूंक ना. वाहनांची टक्कर जाल्ल्यान एम्ब्युलन्स उमथली हाची उच्च न्यायालयानूय योग्य दखल घेवंक ना आनी विचारूय करूंक ना. हाचे वयल्यान एम्ब्युलन्साचेर जाल्लो परिणाम आनी आरोपीची बेजाबदार आनी निश्काळजीपणान वाहन चलोवपाची

पद्दत दिसून येता. आय.पी.सी.च्या कलम 304 ए खाला गुन्यांवा खातीर आरोपीक दोन वर्सां खर बंदखण करपाची ख्यास्त दितना विद्वान न्यायचवकशी न्यायालयान ठोस कारणां दिलीं. उच्च न्यायालयान दिल्ल्या आक्षेपीत निर्णया वयल्यान आनी आदेशा वयल्यान अशें दिसता की, आरोपी वतीन तो गरीब कुटुंबांतलो आसा अशी केस, परिस्थिती कमी करपी अशें मानतात. पूण, आरोपीच्या बेजबाबदार आनी निश्काळजीपणान वाहन चलयल्ल्यान, एका निरपराधी मनशाक मरण आयलें आनी एम्ब्युलन्सांत बशिल्ले दोन जाण जखमी जाले, हाचो उच्च न्यायालयान योग्य विचार करूंक ना.

5.1 भारतीय दंड संहिता ही दंडात्मक आनी प्रतिबंधात्मक स्वरुपाची आसा हाचो उच्च न्यायालयान अजिबात विचार करूंक ना. आय.पी.सी. खाला केल्ल्या गुन्यांवांक गुन्यांवकारांक ख्यास्त दिवप हो मुखेल हेतू आनी उद्देश आसा. आरोपीचें कृत्य निश्काळजीपणाचें आनी हलगर्जीपणाचें आसल्यारच कलम 279 आनी 304 ए लागू करूं येता. **हिमाचल प्रदेश राज्य वि. रामचंद्र रबिदास (2019) 10 एस.सी.सी. 75**, ह्या प्रकरणांत ह्या न्यायालयान निरिक्षण केल्ल्या प्रमाणें ह्या न्यायालयान मोटार वाहन अपघात घडोवन हाडपी गुन्यांवकारांक खर

ख्यास्त दिवपाचे गरजेचेर परत परत भर दिला. वेगान वाडपी मोटारीकरणाक लागून भारताक रस्तो येरादारीक लागून जावपी दुखापतींचो आनी मरणांचो भार वाडत आसा. कुटुंबांतली कमावपी व्यक्ती वा कुटुंबांतलो हेर खंयचोय वांगडी वगडायिल्ल्यान कुटुंबाक जाल्लें अर्थीक लुकसाण, भावनीक आनी समाजीक आघात वा पिडेस्ताचें दिव्यांगत्व मेजपाक मेळना. निरिक्षण नोंद केल्ल्या आनी निर्णय दिल्ल्या प्रमाणें, गुन्यांव आनी ख्यास्त हांचे मदले प्रमाणबद्धतायेचें तत्व मतींत घेवंक जाय. न्याय्य ख्यास्तीचें तत्व म्हणल्यार फौजदारी गुन्यांवा संबंदांत ख्यास्त दिवपाचो आदार आसा, अशें निरिक्षण आसा.

5.2 ह्या पांवड्यार, **सौरभ बक्षी** (**वयर उल्लेखीत**) ह्या प्रकरणांत ह्या न्यायालयाचो न्यायनिवाडो, जातूंत हें न्यायालय आय.पी.सी.च्या कलम 304 ए खाला गुन्यांवाचेर विचार करतना, ताचो संदर्भ दिवप आवश्यक आसा. ख्यास्त दिवपाच्या तत्वाचेर ह्या न्यायालयान निरिक्षण केलां आनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें थारायलां:-

"नामनेचे विचारवंत आनी लेखक सोफोक्लसान हांणी शेंकड्यांनी वर्सां आदीं म्हणिल्लें:

"जो मेरेन भंय आदार दिना तो मेरेन कायदे केन्नाच चालीक लावंक मेळनात." आयच्या समाजांत ह्या विधानाक एके तरेन खूब म्हत्व आयलां. एक वेवस्थीत, सुसंस्कृत आनी शांततायेचो समाज तयार जावचो म्हूण कायद्याक आदर दाखोवप हें दर एका योग्य विचारसरणीच्या नागरिकाचें कर्तव्य आसा. कायदो खंयच्याच प्रकारच्या गोंदळाक विरोध करपी आसा, हें मतींत दवरूंक जाय. अराजकतायेक पुरायपणान असहिश्णू आसा. कोणेंय कायद्याक आडनदर केल्यार कायद्यान मान्य केल्ले प्रमाणबद्धतेचे संकल्पनेचेर आदारून कायद्याच्या कोपाक तोंड दिवचें पडटा. घटनात्मक रितीन स्थापन केल्ल्या मापदंडा भितर न्यायालयीन चवकशी खाला सक्षम विधीमंडळांनी कायदो केल्ल्या फौजदारी कायद्याचो हेतू म्हणल्यार सामुहीक हिताची राखण करप आनी सामुहीक घटक तयार करपी दरेक व्यक्तीक अयोग्य धोक्यांतल्यान वाटावप, हें केन्नाच विसरूंक जायना. कांय वेळार अहंकारकेंद्रीत आनी

असभ्य पद्दतीन म्हणटात की, लोकांच्या व्हडल्या गटांक दोश म्हणून दिसपी वैयक्तीक कृतींक कायदो बांदूंक शकना, पूण, सत्य अशें आसा आनी आसूंक जाय की, जेन्ना लोकशायेंत कायदो घटनात्मक चवकशेची परिक्षा सोंसता, तेन्ना वैयक्तीक कल्पनां कडेन दुर्लक्ष करचें पडटा. कांय वेळार गुन्यांवाच्या स्वरुपाचेर आनी समाजाचेर जावपी परिणामाचेर आदारून कांय गुन्यांव चड भर आनी गंभीरताय घेता. खंयच्याच न्यायालयान दयेचे भावनेन अश्या गजालीं कडेन आडनदर करची न्हय. पिडितेचो अधिकार आसा, हाची सतत याद करून दिवप हें न्यायालयांचें कर्तव्य आसा आनी अशें म्हणलें तरी, कांय प्रसंगांनी पिडीत व्यक्ती तशेंच मोट्या प्रमाणांत समाज पिडीत जावंक शकता, केन्नाच कुशीक काडचो न्हय हें सतत उगडास करून दिवप, हें न्यायालयाचें कर्तव्य आसा. ह्या संदर्भांत न्यायमुर्ती बेंजामिन एन. कार्दोझो हांणी "न्याय जरी आरोपीक लागून आसलो तरी आरोप करप्याकूय मेळटा" हाचें पुनरुच्चार करूं येता आनी ते

> खातीर, गरजेचो मानदंड म्हणल्यार पुर्विल्ल्या काळांत घालून दिल्लीं तत्वां आसचीं पडटात. हें भावनीकतेचे भावनेन मार्गदर्शीत आसचें न्हय तशेंच पूर्वग्रहांनी शासीत आसचें न्हय."

5.2.1 फुडें दिसून येता की ख्यास्त दिवपाचें तत्व सुदारात्मक उपायांक मान्यताय दिता, पूण प्रकरणाचे वस्तुस्थितीचेर आदारून प्रतिकार करप ही सामकी आवश्यक गरज आसता, अशेय प्रसंग येतात.

5.2.2 वयल्या न्यायनिवाड्यांत उच्च न्यायालयान ख्यास्त उणी करून दया दाखयली आनी तेच बरोबर लुकसाण भरपाय फारीक करप हो उणो करपाचो घटक अशें तत्व लागू केलें. ते खातीर ह्या न्यायालयान निरिक्षण नोंद केलां की, तें पुरायपणान चुकीचे सहानुभुतीचेर आदारिल्ले थारता. एके तरेन हीं न्याय व्यवस्थेची फकाणा जातात. सकयल दिल्ल्या प्रमाणें निरिक्षण नोंद केलां आनी निर्णय दिला:-

> “ख्यास्त दिवपाचें तत्व सुदारात्मक उपायांक मान्यताय दिता, पूण प्रकरणाचे वस्तुस्थितीचेर आदारून प्रतिकार करप ही सामकी आवश्यक गरज आसता अशेय प्रसंग येतात, हें सांगपाची गरज ना. आमच्या मतान, उच्च

न्यायालयान ख्यास्त 24 दिसां मेरेन उणी करूंक लुकसाण भरपाय दिवप, हें एक घटक अशें तत्व लागू करूंक दयेचे भावनेन भारावन गेला, अशें म्हणप योग्य थारतलें. एके तरेन हीं न्याय व्यवस्थेची फकाणा जातात. कारण न्याय म्हणल्यार सिसेरोन सांगिल्ल्या प्रमाणें, "राजमुकुटाचें वैभव", "सार्वभौम मालकीण" आनी "सद्गुणाची राणी". असो गुन्यांव फकत पिडीत व्यक्तींचेंच न्हय तर तांच्या भोंवतणच्या जायत्या जाणांचें जिवीत वायट करता. ताका लागून निमाणें न्यायवेवस्थे वयलो लोकांचो विस्वास ना जाता."

5.2.3 रस्त्या संबंदीत अपघात वाडपाचो हुस्को दाखोवन ह्या निर्णयांत सकयल दिल्ल्या प्रमाणें निरिक्षण नोंद केलां:-

"रस्त्यार जावपी अपघातांचे बाबतींत भारताचें नांव पिड्ड्यार आसा. ड्रायव्हरां मदीं बेपर्वा वृत्ती आसा. "सर्वेक्षण करतात त्या सगळ्या गजालींचे सम्राट" अशें तांकां दिसता. सोरो पिवन निश्काळजीपणान वाहन चलोवंक प्रवृत्त जातात, जाका लागून हेर लोक त्रासांत पडटात. गरिबांक

दिसता आपलें जिवीत सुरक्षीत ना, रस्त्यार चलपी लोक अनिश्चीततायेचो विचार करतात आनी सुसंस्कृत व्यक्ती सतत भियेवन वाहन चलयतात. पूण तरी लेगीत स्वताक "जिणे परस व्हड" अशें मानपी लोकांचे वायट वृत्ती विशीं भिरांत दिसता. अशे परिस्थितींत आमदारांनी खूब विचार करून, आय.पी.सी.च्या कलम 304-ए हातूंत ख्यास्त दिवपाच्या धोरणाची चांचणी, पुनर्विचार आनी फेरविचार करूंक जाय.

5.3 ह्या पांवड्यार, **सुरेंद्र सिंग** (**वयर उल्लेखीत**) ह्या प्रकरणांतलो न्यायालयाचो आनीक एक निर्णय, जो आय.पी.सी.च्या कलम 279 आनी 304 ए खाला गुन्यांवांचेरूय आसा, ताचो संदर्भ घेवप गरजेचें आसा. ह्या न्यायालयांतल्या प्रकरणांत विद्वान न्यायचवकशी न्यायालयान कलम 304 ए खाला आरोपीक दोशी थारायतना आरोपीक दोन वर्सां खर बंदखण दिवपाची ख्यास्त फर्मायली. उच्च न्यायालयान ख्यास्त कायम दवरतना, विद्वान न्यायचवकशी न्यायालयान दिल्ली ख्यास्त दोन वर्सां खर बंदखण वयल्यान पयलींच जाल्ल्या कालावधींत उणी केली आनी मरण आयिल्ले व्यक्तीच्या विधवा / आवयक दिवपा

सारकी आनीक 2000/- रुपया लुकसाण भरपाय दिली. उच्च न्यायालयान घेतिल्लें मत मान्य करिनासतना आनी उच्च न्यायालयान ख्यास्त उणी करपाचो आदेश कुशीक दवरतना, ह्या न्यायालयान परिच्छेद 6 ते 14 त अशें निरिक्षण केलां:-

> 6. प्रस्तूत प्रकरणांत, पुराव्यांची योग्य मोलावणी केल्या उपरांत न्यायचवकशी न्यायालयान असो निश्कर्श काडलो की, आरोपीन भौशीक रस्त्यार जीप बेजबाबदार आनी निश्काळजीपणान चलोवन विजयाचो जीव धोक्यांत घालो. आरोपीन जिपींत पयलीं पुलियाक आनी उपरांत बाबूल झाडाक धपको दिलो. अशा अपघाताक लागून जिपींत भोंवपी विजय सिंग जखमी जावन ताका मरण आयलें आनी जिपींत आशिल्लो आनीक एक मनीस मंगीलाल जखमी जालो. न्यायचवकशी न्यायालयान दोशी थारावपाचो आदेश पारीत करतना कसलींच बेकायदेशीरपणां करूंक नात आनी आरोपीन दाखल केल्ल्या ह्या अपिलांत न्यायचवकशी न्यायालयाच्या निश्कर्शाचेर शिक्को मारप अशें आमचें मत आसा. पूण

पुराव्याची योग्य मोलावणी करिनासतना आनी गुन्यांवाचे गंभीरतायेचो विचार करिनासतना उच्च न्यायालयाच्या विद्‌वान एकल न्यायाधिशान पयलींच जाल्ल्या कालावधी प्रमाणें ख्यास्त फर्मावपी सुदारणां करून फावो जायना अशी सहानुभुती दाखयल्या.

7. आमी विचारांत घेतिल्ल्या मतान, उच्च न्यायालयान हो आक्षेपीत आदेश पारीत करतना [*सुरेंद्र सिंग वि. मध्य प्रदेश राज्य*, फौजदारी पुनरावलोकन क्रमांक 3/2008, तारीख 22-8-2012 (म.प्र.) दिसा निर्णीत], ह्या न्यायालयान निर्णयांचे श्रेणींत उच्चारिल्ल्या तत्वांक पाळो दिवंक पुरायपणान अपेशी थारला. अपर्याप्त ख्यास्त दिवपाच्या माध्यमांतल्यान अनुचीत सहानुभुती दिल्यार न्याय वेवस्थेक चड लुकसाण जावन कायद्याचे कार्यक्षमते वयलो लोकांचो विस्वास उणो जातलो आनी समाज गंभीर धोक्यांक लागून चड काळ तिगूंक शकचो ना. न्यायालयांनी जखमींची राखण करूंक ना जाल्यार जखमी लोक मागीर वैयक्तीक सूड

घेवपाचो आदार घेतले. देखून, खंयच्याय न्यायालयाचें कर्तव्य म्हणल्यार गुन्यांवाचें स्वरूप आनी तो केल्ले पद्दतीचो विचार करून योग्य ख्यास्त दिवप. (पळयात, *सेवका पेरुमाल वि. तमीळनाडू राज्य.* [(1991) 3 एस.सी.सी. 471 : 1991 एस.सी.सी. (फौ) 724 : ए.आय.आर. 1991 एस.सी. 1463] )

8. *धनंजोय चॅटर्जी वि. अस्तंत बंगाल राज्य* [(1994) 2 एस.सी.सी. 220 : 1994 एस.सी.सी. (फौ) 358] प्रकरणांत, ह्या न्यायालयान सकयल दिल्ल्या प्रमाणें निर्णय दिलो: (एस.सी.सी. पान 239, परिच्छेद 14-15)

"14. हालींच्या कांय वर्सांनी गुन्यांवांचें प्रमाण वाडत आशिल्ल्यान - खास करून बायलां आड जावपी हिंसक गुन्यांवांक लागून न्यायालयां कडल्यान जावपी गुन्यांवकारी ख्यास्त हो हुस्को करपा सारको विशय जाला. गुन्यांवांच्या ख्यास्तींनी खूब भिन्नताय दिसता हें मान्य आसा. कांय गुन्यांवकारांक खूब खर ख्यास्त मेळटा

जाल्यार जायत्यांक समान गुन्यांवाक लागून खूब वेगळी ख्यास्त मेळटा आनी धक्को दिवपी गजाल म्हणल्यार व्हड प्रमाणांत ख्यास्त लेगीत जायना, आनी ताका लागून गुन्यांवकाराक प्रोत्साहन मेळटा आनी निमाणें वेवस्थेची विश्वासार्हताय दुबळी करून न्यायाक त्रास जाता. अर्थात, ख्यास्त दिवपा संबंदीत खंयचेंय स्पश्ट आनी निश्चीत अशें सुत्र घालप शक्य ना, पूण गुन्यांवाक ख्यास्त नासतना वचूंक दिवंक जायना आनी गुन्यांवाक बळी पडिल्ल्यांक तशेंच समाजाक न्याय मेळटा हाचें समाधान मेळप हो ख्यास्त दिवपाचो उद्देश आसूंक जाय. ख्यास्त दितना, विशिश्ट कायदो नासतना न्यायाधिशांनी विंगड विंगड घटकांचो विचार करूंक जाय आनी त्या सगळ्या घटकांचो विचार करून परिस्थितीचेर एकंतर नदर दवरून तांकां योग्य दिसपी ख्यास्त दिवंक जाय. खर करपी घटकां कडेन दुर्लक्ष करूंक मेळना आनी अशेच तरेन शमन उपायांचे परिस्थितीचोय विचार करचो पडटा.

15. आमच्या मतान, प्रस्तूत प्रकरणांतले ख्यास्तीचें माप गुन्यांवाच्या अत्याचाराचेर आदारून; गुन्यांवकाराचें आचरण आनी पिडिताची निराधार आनी असुरक्षीत स्थिती हांचेर आदारून आसूंक जाय. न्याय मेळचो हे समाजाचे मागणेक न्यायालय जे पद्दतीन जाप दिता, तेच पद्दतीन गुन्यांवकारांक फावो ती ख्यास्त दिवंक जाय. न्यायालयांनी गुन्यांवाक फावो अशी ख्यास्त दिवची अशी मागणी न्यायवेवस्था करता, जाका लागून न्यायालयां गुन्यांवां विशीं लोकांचो तिरस्कार प्रतिबिंबीत करतलीं. न्यायालयांनी फावो ती ख्यास्त दिवपाचो विचार करतना फक्त गुन्यांवकाराचे हक्कच न्हय तर गुन्यांवाच्या पिडिताचे आनी मोट्या प्रमाणांत समाजाचे हक्क लक्षांत दवरूंक जाय."

9. ह्या पैलूचेर विचार करतना, सर्वोच्च न्यायालयान *महेश वि. मध्य प्रदेश राज्य* [(1987) 3 एस.सी.सी. 80 : 1987 एस.सी.सी. (फौ) 379 : (1987) 2 एस.सी.आर

710] ह्या प्रकरणांत टिप्पणी केली की: (एस.सी.सी. पान 82, परिच्छेद 6)

"6. ... अशे पुरावे आनी अशा क्रूर कृत्यांक तोंड दितना ह्या अपीलकर्तांक कायद्याचे खूब खर ख्यास्तींतल्यान सुटपाक परवानगी दिवप, हीं न्यायाचीं वा न्याय व्यवस्थेची फकाणा थारतलीं. अपीलकर्तांक उणी ख्यास्त दिवप म्हणल्यार ह्या देशाची न्यायवेवस्था दुबावीत करप अशें थारतलें. न्यायालयांचेर सामान्य मनशाचो विस्वास उणो जातलो. अशा वेळार तो सुदारक भाशे परस प्रतिकाराची भाशा चड समजून घेता आनी ताचें कौतूक गायता. हें म्हणटाना आमी ख्यास्त फर्मावपाचे प्रक्रियेंत सुदारणावादी दृश्टीकोणाचे गरजे कडेन दुर्लक्ष करिनात."

10. *हजारा सिंग वि. राज कुमार* [(2013) 9 एस.सी.सी. 516 : (2014) 1 एस.सी.सी. (फौ) 159] ह्या प्रकरणांत, ह्या न्यायालयान निरिक्षण केलां की: (एस.सी.सी. पान 521, परिच्छेद 10)

"10. ...योग्य ख्यास्त दिवपा खातीर सगळ्या संबंदीत घटकांचो विचार करप हें न्यायालयांचें कर्तव्य आसा. विधीमंडळान न्यायवेवस्थेक ख्यास्त दिवपाच्या धोरणांत व्हड स्वेच्छाधिकार दिला, ताचो वापर चडांत चड जतनाय आनी खबरदारीन करूंक जाय. दिल्ली ख्यास्त थेट गुन्यांवाच्या स्वरूप आनी व्याप्ती हांच्या प्रमाणांक आसूंक जाय. प्रमाणबद्द ख्यास्त दिवपाचो निकश न्यायाधिशांक योग्य आनी निपक्षपाती निर्णय घेवंक मदत करूंक शकता."

ह्या न्यायालयान फुडें (हजारा सिंग प्रकरण [(2013) 9 एस.सी.सी. 516 : (2014) 1 एस.सी.सी. (फौ) 159], एस.सी.सी. पान 521, परिच्छेद 11) ह्या प्रकरणांत निरिक्षण केलें की:

"11. गुन्यांवकाराक दिल्ले ख्यास्तींत ताणें केल्ल्या गुन्यांवाचें प्रतिबिंब आसूंक जाय आनी ती गुन्यांवाचे गंभीरताये प्रमाणें आसूंक जाय अशें ख्यास्त दिवपाच्या धोरणाचें मुखेल तत्व आसा. ह्या न्यायालयान जायत्या

प्रकरणांनी गुन्यांवकारांक ख्यास्त दिवंक प्रमाणबद्दतायेची कैंद्रीय भुमिका आसा हाचेर परत परत भर दिला.

11. *शैलेश जसवंतभाई वि. गुजरात राज्य* [(2006) 2 एस.सी.सी. 359 : (2006) 1 एस.सी.सी. (फौ) 499] हातूंत सर्वोच्च न्यायालयान मत दिलें की: (एस.सी.सी. पान 361-62, परिच्छेद 7-8)

"7. कायदो समाजीक हीत-संबंदांचें नियंत्रण करता, विरोधी दावे आनी मागणी हांचेर मध्यस्ती करता. लोकांक आनी लोकांची मालमत्ता सुरक्षीत दवरप हें राज्याचें एक म्हत्वाचें कार्य. फौजदारी कायद्याच्या साधनसुविधां वरवीं तें साध्य करूं येता. प्रती-संस्कृतीक संघर्श दुबावा विरयत आसा, जंय अस्तितवांत आशिल्ल्या कायद्यान नव्या आव्हानांक जाप सोदून काडूंक जाय आनी आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर न्यायालयांनी ख्यास्त दिवपाची प्रणाली तयार करूंक जाय. बेकायदेशीरपणाच्या संसर्गाक लागून समाजीक वेवस्थेक आडमेळीं येतात आनी ती नश्ट जावंक

शकता. समाजाची राखण आनी गुन्यांवकारी प्रवृत्ती निश्चीत करप हो कायद्याचो उद्देश आसूंक जाय, जो योग्य ख्यास्त दिवन साध्य करचो पडटा. देखून 'सुवेवस्थेची' बुन्याद म्हूण कायद्यान समाजाक तोंड दिवपी आव्हानांक तोंड दिवंक जाय. फ्रीडमॅन हांणी आपल्या 'लॉ इन चेंजिंग सोसायटी' ह्या ग्रंथांत अशें म्हणलां: 'गुन्यांवकारी कायद्याची स्थिती समाजाचे समाजीक जाणविकायेचें निर्णयाक प्रतिबिंब आसा.' देखून ख्यास्त दिवपाची पद्दत चलयतना कायद्यान तथ्यात्मक चौकटीचेर आदारिल्ली दुरुस्ती यंत्रणा वा आडावप आपणावचें. कुशळ मॉड्युलेशनान, ख्यास्त दिवपाची प्रक्रिया जंय आसूंक जाय थंय खर आसची, आनी जंय आसूंक जाय थंय दया आसची. दर एका प्रकरणांतली वस्तुस्थिती आनी दिल्ल्यो परिस्थिती, गुन्यांवाचें स्वरूप, ताची येवजण आनी कृती करपाची पद्दत, गुन्यांव करपाचो हेतू, आरोपीचें आचरण, वापरिल्ल्या शस्त्रांचें

स्वरूप आनी हेर सगळ्यो परिस्थिती, ह्यो संबंदीत वस्तुस्थिती विचाराच्या क्षेत्रांत प्रवेश करतात.

8. देखून अपर्याप्त ख्यास्त दिवंक अनुचीत सहानुभुती दिल्यार न्याय वेवस्थेक चड लुकसान जातलें आनी कायद्याचे कार्यक्षमते वयलो लोकांचो विस्वास उणो जातलो आनी समाज अशा गंभीर धोक्यांक चड काळ तिगूंक शकचो ना. देखून गुन्यांवाच्या स्वरुपाचो आनी ताची कशी अंमलबजावणी जाली वा गुन्यांव कसो केला ह्या सारकिल्या गजालींचो विचार करून योग्य ख्यास्त दिवप, हें दर एका न्यायालयाचें कर्तव्य आसा."

*12. ह्या न्यायालयाच्या तीन न्यायाधिशांच्या खंडपिठान अहमद हुसेन वली मोहम्मद सैयद वि. गुजरात राज्य [(2009) 7 एस.सी.सी. 254 : (2009) 3 एस.सी.सी. (फौ) 368] ह्या प्रकरणांत निरिक्षण केलां की: (एस.सी.सी. पान 281, परिच्छेद 99-100)*

*"99. ... योग्य ख्यास्त दिवपाचो उद्देश समाजाची राखण करप आनी गुन्यांवकाराक योग्य ख्यास्त दिवन*

कायदो मोडपाचो जाहीर केल्लो उद्‌देश साध्य करपा पासून आडावप (सिक ब्रेक द) हो आसूंक जाय. समाजाचे विवेकबुद्‌दीचें प्रतिबिंब करपी अशी ख्यास्त दिवपा खातीर न्यायालयांनी ख्यास्त दिवपाची पद्‌दत आपणावंक जाय आनी ख्यास्त दिवपाची प्रक्रिया जंय आसूंक जाय थंय खर आसची पडटा अशी अपेक्षा आसा. अशा गुन्यांवांच्या संदर्भांत अल्प ख्यास्त दिवन वा चड वेळ गेला म्हणून सहानुभुतीपूर्ण नदर दवरून खंयचीय उदारमतवादी वृत्ती दीर्घ काळांत आनी समाजाच्या हिताच्या आड आसतली, हाची जतनाय घेवपाची आनी प्रतिकाराच्या धाग्यान घटमूट करपाची गरज आसा.

100. न्यायालयांनी गुन्यांवाक फावो अशी ख्यास्त दिवची अशी मागणी न्यायान केल्या, जाका लागून न्यायालयां गुन्यांवांचो भौशीक तिरस्कार प्रतिबिंबीत करतलीं. न्यायालयांनी फावो ती ख्यास्त दिवपाचो विचार करतना फक्त गुन्यांवाच्या पिडिताचे हक्कच न्हय तर मोट्‌या प्रमाणांत समाजाचे हक्क लक्षांत दवरूंक जाय.

*फकत पिडिताचेर न्हय तर गुन्यांवकार आनी पिडीत दोगूय ज्या समाजांत आसात, त्या समाजा आड केल्ल्या गुन्यांवाक फावो ती ख्यास्त दिवंक ना जाल्यार न्यायालय आपल्या कर्तव्यांत अपेशी थारतलें.*

13. अपर्याप्त ख्यास्त दिवपाक अनुचीत सहानुभुती दिल्यार न्यायवेवस्थेक चड लुकसान जातलें आनी कायद्याचे कार्यक्षमते वयलो लोकांचो विस्वास उणो जातलो अशें आमी ह्या प्रकरणांत परतून परतून सांगतात. देखून गुन्यांवाच्या स्वरुपाचो आनी ताची कशी अंमलबजावणी जाली वा गुन्यांव कसो केला ह्या गजालींचो विचार करून योग्य ख्यास्त दिवप, हें दर एका न्यायालयाचें कर्तव्य आसा. ख्यास्त दिवपी न्यायालयांनी ख्यास्त दिवपाच्या प्रस्नाचेर संबंदीत आशिल्ल्या सगळ्या संबंदीत वस्तुस्थितींचो आनी परिस्थितीचो विचार करून गुन्यांवाचे गंभीरताये प्रमाणें ख्यास्त दिवपाची अपेक्षा आसता. न्यायालयांनी फावो ती ख्यास्त दिवपाचो विचार करतना फक्त गुन्यांवाच्या पिडिताचे हक्कच न्हय तर

मोट्या प्रमाणांत समाजाचे हक्क लक्षांत दवरूंक जाय. गुन्यांवाच्या प्रमाणाचो विचार करनासतना फकत काळ गेल्ल्यान दिल्ली अल्प ख्यास्त दीर्घ काळांत प्रतिकूल आनी समाजाच्या हिताच्या आड थारतली.

14. हालींच्या *मध्य प्रदेश राज्य वि. बबलू* [(2014) 9 एस.सी.सी. 281: (2014) 6 एस.सी.सी. (फौ) I], ह्या प्रकरणांत दिल्ल्या एका निर्णयान आदल्या निर्णयांचो विचार करून आनी ताचे उपरांत, ह्या न्यायालयान कायद्याचो निश्चीत प्रस्ताव परतून सांगलो की, फौजदारी कायद्याचो एक मुखेल उद्देश म्हणल्यार गुन्यांवाची गंभीरताय, गुन्यांवाचें स्वरूप आनी गुन्यांव करपाचे पद्दती प्रमाण योग्य ती ख्यास्त दिवप. गुन्यांवाची गंभीरताय लक्षांत घेवन ख्यास्त दिवपाचो निर्धारक घटक विचारांत घेतना समाजाचें समाजीक हीत आनी विवेकबुद्दी लक्षांत घेवंक जाय. ख्यास्त इतली नम्र आसूंक फावना की समाजाचे विवेकबुद्दीक धक्को बसता. देखून ख्यास्त दितना योग्य समतोल दवरप हें

न्यायालयाचें म्हत्वाचें कर्तव्य आसा, कारण उणी ख्यास्त दिल्यार खंयच्याय गुन्यांवकाराक प्रोत्साहन मेळटा आनी त्या खातीर ताचो परिणाम समाजाचेर जाता.

5.4 **सुरेंद्र सिंग** (**वयर उल्लेखीत**) प्रकरणांत ह्या न्यायालयान थारायिल्लो कायदो हातांत आशिल्ल्या प्रकरणाचे वस्तुस्थितीक लागू करून, विद्वान न्यायचवकशी न्यायालयान दिल्ले ख्यास्तींत हस्तक्षेप करपी उच्च न्यायालयान दिल्लो आक्षेपीत निर्णय आनी आदेश, जो पयली अपिलीय न्यायालयान आरोपी कडेन फावो ना ती सहानुभुती दाखोवन कायम केला, ती टिकपा सारकी ना आनी ती रद्द करून कुशीक दवरपाक फावो.

6. वयर दिल्ल्या प्रमाणें आनी वयर सांगिल्ल्या कारणांक लागून, प्रस्तूत अपील यशस्वी थारता. आय.पी.सी.च्या कलम 304 ए खाला गुन्यांवाची ख्यास्त दोन वर्सां खर बंदखण वयल्यान आठ म्हयन्यां मेरेन तिगोवन दवरतना, उच्च न्यायालयान दिल्लो आक्षेपीत निर्णय आनी आदेश रद्द करून कुशीक दवरता. पयल्या अपील न्यायालयान (विद्वान सत्र न्यायालयान) कायम केल्ली विद्वान न्यायचवकशी न्यायालयान दिल्ली ख्यास्त पुनर्स्थापीत करता. आतां उरिल्ली

ख्यास्त भोगपा खातीर आरोपीक ताब्यांत घेवचें. आरोपीक शरण येवंक चार सप्तकांचो वेळ मेळटा. प्रस्तूत अपील त्या प्रमाणें, मंजूर जाता.

*दिव्या पांडे* *अपिलाक मान्यताय दिल्या.*

*(सहाय्यक : अभिशेक अग्नीहोत्री आनी शेवाली मोंगा, एल.सी.आर.ए)*

## अस्विकरण

ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**